महात्मा गांधी जयंती निमतान राज्यपालाचो संदेश

ता. 1 ऑक्टोबर 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी महात्मा गांधी जयंती निमतान गोंयच्या लोकांक आपलो संदेश दिला. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गांधी जयंती आनी आंतरराष्ट्रीय अहिंसा दिसाच्या ह्या म्हत्वाच्या प्रसंगार आमी राष्ट्रपीता महात्मा गांधी हांचो आदर आनी कृतज्ञतायेन उगडास करतात.

गांधीजी हे संवसारातले एक म्हान स्वातंत्र्य सैनिक, जांणी ब्रिटीश सत्तेआडच्या स्वातंत्र्य चळवळीत सत्य, प्रेम आनी अहिंसात्मक मार्गान भारताच्या स्वातंत्र्याक योगदान दिले. भारत देश गांधीजींच्या कायम उपकारांत आसा. ते संवसारातले मुर्तीवंत व्यक्तिमत्व आसून तांणी संवसारातल्या असंख्य फुडाऱ्यांक प्रेरणा दिली. तांचे वैश्वीक विचार आयज लेगीत आमकां प्रेरणा दिता. सध्या देशांत चालू आशिल्ल्या स्वच्छ भारत अभियानाक गांधीजींच्या नितळसाण आनी भलायकीच्या मुल्यांची प्रेरणा आसा. एक स्वातंत्र्य सैनिक, समाज सुधारक आनी अध्यात्मिक मार्गदर्शक म्हूण विकसीत भारताखातीर गांधीजी हे व्हड प्रेरणास्थान आसा.

हांव ह्या प्रसंगार सगळ्यां नागरिकांक खास प्रार्थना करपाक आनी गांधीजींची वैश्वीक मुल्यां आनी तत्वगिन्यानाचो प्रसार करपाक एकवटीत जावपाचो उलो मारता. महात्मा गांधीजींक आयज आमी जी भावपुर्ण आदरांजली ओपतात ती फुडारांत अनेक पिळग्यांक प्रेरणा दितली आनी महात्मा गांधीजींचे स्वप्न सत्यात हाडपाक आमची जापसालदारकी आनीक वाडटली, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/599

--

Issued by Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji